आसामाची गतीशील कामगार बाळाचे नेटान वाड जाल्ल्यान ताचें रुपांतर एक मुखेल गुंतवणूक गंतव्यांत जावपाक लागलां अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. गुवाहाटींत ॲडव्हांटेज आसाम 2.0 इन्व्हेस्टमेंट अँड इन्फ्रास्ट्रक्चर समिटाचें उक्तावण करतना तांणी सांगलें, आसाम भारतांत अर्दवायू उत्पादनाचें म्हत्वाचें केंद्र जावपाक लागलां. प्रधानमंत्रीमोदी हांणी सांगलें, उदेंत भारत आनी ईशान्य भारत फुडाराच्या नव्या प्रवासाक सुरवात करतात आनी ॲडव्हांटेज आसाम हो आसामाची अविश्वसनीय क्षमता आनी प्रगती संवसारांत गुंथपाचो एक मुखेल उपक्रम आसा. संवसारीक अनिश्चितताय आसून लेगीत भारताची नेटान वाड जावपाची एक निश्चीतताय म्हणल्यार तज्ञ एकमत आसात अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें. तांणी सांगलें, भारत मिशन मोडांत आपलो उत्पादन क्षेत्र चालीक लायता आनी मेक इन इंडिया उपक्रमांतल्यान उण्या खर्चाच्या उत्पादनाक चालना दिता. प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, उद्देग, नवनिर्माण चालीक लायिल्ली संस्कृताय आनी इज ऑफ डूइंग बिझनेस हांकां चालना दिवपा खातीर आमी एक पुराय पर्यावरण यंत्रणा तयार केल्या. संवसारीक प्रगती, डिजिटल क्रांती, नवनिर्माण आनी तंत्रज्ञानान चलपी प्रगतीचेर आदारून आसा आशे ताणी सांगलें.

---

उपराष्ट्रपती, जगदीप धनखर आयज अरुणाचल प्रदेशाक भेट दितले. आपल्या भेटी वेळार ते कामले जिल्हयांतल्या कम्पोरिजो मंडळा खाला बोआसिमला हांगा पयलेच खेपे संयुक्त मेगा न्योकुम युल्लो उत्सवांत मुखेल सोयरे म्हूण वांटो घेतले. केंद्रीय संसदीय वेव्हार आनी अल्पसंख्यांक वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजूय उपराष्ट्रपती वांगडा ह्या उत्सवाक हाजीर रावपाचे आसात. पदभार घेवपा उपरांत उपराष्ट्रपती धनखर हांची ही तिसरी राज्य भेट आसतली. न्योकुम उत्सव हो राज्यांतल्या न्यशी जमाती मनयतात . सगळ्याक बरी उत्पादकता, समृध्दी आनी सुख मेळचे म्हुणून हो उत्सव मनयतात.

---

केंद्रीय घर आनी सहकार मंत्री अमित शाहा हाणी काल नवी दिल्लींत भारतीय बीज सहकारी समिती लिमिटेडच्या पारंपारीक आनी गोड बियां संबंदी नियाळ बसका घेतली. हे बसकेंत पारंपारीक बियांचें संवर्धन आनी प्रसार करपा खातीर

बीबीएसएसएल सतत यत्न करता अशे मंत्री शाहा  हाणी सांगलें. तशेंच देशांतल्या वेगवेगळ्या प्रदेशांतल्या कांय वेंचून काडिल्ल्या पारंपारीक बियांचें सेंद्रीय उत्पादन आनी खरीफ-2025 सावन बाजारांत तांची व्यापक उपलब्धताय सुनिश्चीत करपाचे निर्देश तांणी दिले.सभेंत मंत्री शाहा हाणी देशभरांतल्या फळां, भाजीपालो आनी अन्नधान्यांच्या सगळ्या पारंपारीक बियांचो व्यापक डेटाबेस तयार करपाचेर आनी तांचे संवर्धन आनी प्रसार करपा खातीर एक व्यापक कृती आराखडो चालीक लावपाचेर भर दिलो

---

---

महाकुंभ मेळ 2025साची आयज प्रयागराजांत महाशिवरात्रि उत्सवा निमतान समाप्ती जाता. प्रयागराजांतल्या संगम आनी हेर घाटांचेर आयज सकाळीं सावन देशभरांतल्यान येवपी यात्रेकरू पवित्र बुडटी घेतात. 13 जानेवारी सावन सुरू जाल्ल्या महाकुंभ मेळाक स सप्तकांत आतां मेरेन चौसष्ट कोटी वयर भोंवडेकार आयल्यात.  महाशिवरात्रि हें भगवान शिव आनी पार्वती देवी हांच्या दैवी मिलनाचे चिन्न आसून कुंभमेलाच्या संदर्भांत ताका खोलायेन म्हत्व आसा. महाकुंभ नगर आनी वेगवेगळ्या घाटांचेर  गर्दीचेर नियंत्रण दवरून सुरक्षा कर्मचारी  सतर्क उरले. मजगती महाशिवरात्रेच्या निमतान आयज महाकुंभ भक्तां खातीर उत्तर प्रदेशांतल्या प्रयागराज सावन  350 परस चड रेल्वे  गाडयो चलोवपाचे आसात. रेल्वे मंत्रालयान सांगलें, महाशिवरात्रि स्नान उपरांत अतिरिक्त गाडयो चलोवपाची खाशेली वेवस्था केल्या, आनी वापरा खातीर प्रयागराज लागसार अतिरिक्त रेक दवरल्यात. उत्तर प्रदेश, बिहार, मध्य प्रदेश, झारखंड, बंगाल ह्या सारक्या वेगवेगळ्या राज्यांतल्यान व्हड प्रमाणांत यात्रेकरुंक प्रयागराजांत जमून संगमांत न्हाण केला. ह्या पुराय रेल्वे कारवायेचेर रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव आनी रेल्वे मंडळाचे अध्यक्ष सतीश कुमार हांणी  नदर दवरल्या.

---

आसामच्या उदरगती खातीर सरकार वावुरता आनी आसाम भारताचा वाडीचे इंजिन जातलें अशें केंद्रीय म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. ‘विकसित भारता खातीर आसामांत अर्दवायू क्षितीज फुडें व्हरप’ ह्या विशयाचेर ‘एडव्हांटेज आसाम 2.0 गुंतवणूक आनी मुळावी बांदावळ शिखर

परिषद' अधिवेशनांत उलोवप करतना मंत्री वैष्णव हांणी , जागीरोडांतल्या अर्दवायू प्लांटांतल्यान आसामाचें अर्दवायू केंद्रांत रुपांतर जातलें अशे सांगले. तशेंच गुवाहाटींतल्या रेल्वे स्टेशनाचे जमनीचेर अत्याधुनीक आयटी हब तयार करतले अशेंय तांणी जाहीर केलें.

---

किसान क्रेडीट कार्डा खाला वट्ट धा लाख कोटी रुपयां वयर रीण दिलां, ताचो फायदो सात कोटी ब्यात्तर लाख शेतकारांक जाला. किसान क्रेडीट कार्ड हें बँकींग उत्पादन आसा जें शेतकारांक बियो, सारें, कीटकनाशकां सारकिले शेतकी सामुग्री खरेदी करपा खातीर वेळार आनी परवडपी पतपुरवण दिता. ह्या येवजणे वरवीं वर्साक 7 टक्के सवलतीच्या व्याजदरान तीन लाखां मेरेन अल्पकाळ शेतकी रीण दिवपा खातीर सरकार बँकांक 1.5 टक्के व्याज अनुदान दिता अशें केंद्रीय अर्थ मंत्रालयान सांगलां.

---

आयज महाशिवरात्रिचो उत्सव धर्मीक उमेदीन आनी भक्तीभावान मनयतात. मजगतींत गुजरातांत सगळ्यांत पूज्य सोमनाथ महादेव देवूळ, द्वारका हांगाचें नागेश्वर देवूळ आनी राज्यांतल्या हेर नामनेच्या शिव देवळांक व्हड प्रमाणांत भक्त भेट दितात. भक्तांक सोयी खातीर सोमनाथ देवळांत खाशेली वेवस्था केल्या अशी म्हायती दिल्या. सोमनाथांत महाशिवरात्रिच्या उत्सवाक खाशेलें म्हत्व आसा आनी हो उत्सव सकाळीं 4 वरांचेर सुरू जाता.महाशिवरात्रिच्या निमतान सोमनाथ देवळांत 42 वरांचो सतत धर्मीक उत्सव सुरू जालो. परंपरे प्रमाण सोमनाथ यज्ञशाळार सकाळीं पयलींच होमत लघुरुद्र यज्ञ जाता. आकाशवाणी कडेन उलयतना सोमनाथ देवळाचो सरव्यवस्थापक विजयसिंह चवदा हांणी सांगलें, आयज सकाळीं 4:00 वरांचेर सावन सोमनाथ देवूळ भक्तां खातीर 42 वरां उक्तें उरतलें.महाशिवरात्रिचे रातीं चार वरांची महापूजा आनी महा आरतीय आयोजीत केला. तेच प्रमाण द्वारका हांगाच्या नागेश्वर आनी जूनागढांतल्या भावनाथ देवळा सयत राज्यांतल्या हेर नामनेच्या शिव देवळांनीय व्हड प्रमाणांत भक्तांची गर्दी जाल्या.

---

कर्मचाऱ्यांच्या प्रॉव्हिडंट फंड ऑर्गनायझेशनान फाटल्या वर्सा डिसेंबरांत 16 लाखां वयर वांगडी जोडल्यात. नोव्हेंबर 2024 वर्सा जोडिल्ल्या वांगड्याच्या तुळेंत ही

9.एकुनसततर टक्क्यांनी वाड जाल्या.कामगार आनी रोजगार मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण 18 ते 25 वर्सां पिरायेच्या गटांत चार लाख पंच्यायशी हजार नवे ग्राहक जोडले.

---

तेलंगणान जिवीत विज्ञान क्षेत्रांत सुमार 11 हजार कोटी रुपयांची गुंतवणूक वचनबद्धताय मेळयल्या, जातूंत 22 हजारां वयर नोकऱ्यो निर्माण करपाची शक्यताय आसा. काल हैदराबादांत सुरू जाल्ल्या जिवीत विज्ञान आनी भलायकी जतनाय मंचाचेर बायोएशिया 2025 ह्या मंचाचेर ही घोशणा केल्या. वर्सुकी बायोएशिया मंच उद्देग प्रतिनिधी, शास्त्रज्ञ, नवनिर्माण करपी आनी धोरण निर्माते एकठांय हाडून वखदां, भलायकी जतनाय, आनी तंत्रगिन्यानांतल्या उदरगतीचेर चर्चा करतात.

---

केंद्रीय माध्यमीक शिक्षण मंडळ 2025-26 वर्साच्या शिक्षणीक सत्रांतल्यान 10 व्या वर्गा खातीर दोन मंडळ परिक्षा घेवपाच्या धोरणाच्या मसुद्याचेर प्रतिसाद मागला. धोरणाच्या मसुद्यांत सीबीएसईन धावे वर्गाची मंडळ परिक्षा दोन टप्प्यांनी करपाचो प्रस्ताव मांडला, पयलो टप्पो फेब्रुवारी ते मार्च आनी दुसरो टप्पो मे म्हयन्यांत जातलो. तशेंच 15 फेब्रुवारी उपरांतच्या पयल्या मंगळारा सावन धावी आनी बारावी परिक्षा सुरू करपाचो प्रस्ताव येवजणेंत केल्लो. फुडल्या म्हयन्याच्या 9 तारखे मेरेन आपलो प्रतिसाद सादर करचो असो उलो सीबीएसईन मारला.

---

भारतीय हवामान खात्यान आयज कोंकण आनी गोंय, कर्नाटक, उत्तर केरळ, माहे हांगा उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास काडला.